TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

[2021] 4 एस. सी. आर. 279

राहूल एस. शाह

विरुद्ध

जिनेंद्र कुमार गांधी आनी हेर.

(दिवाणी अपील क्रमांक 1659 –1660/ 2021)

22 एप्रील 2021

[**एस. ए. बोबडे, भारताचे मुख्य न्यायमुर्ती, एल. नागेश्वर राव आनी एस. रवींद्र भट, न्या.**]

भारतीय संविधानः अनुच्छेद 142, 141 आनी 144 – अंमलबजावणी कार्यवाहींत कळाव करप आनी अंमलबजावणी न्यायालयाचे प्रक्रियेचो दुरुपेग – अयशस्वी दाव्यां वरवीं फटींचे आक्षेप मांडप आनी तृतीय पक्ष स्थापीत करप, हुकुमनाम्याचे अंमलबजावणीचेर आक्षेप घेवप, कळाव करप आनी आडमेळीं हाडपाचे यत्न- कळाव कमी करपाची तातडीची गरज- हें लक्षांत घेवन, विवाद आनी तृतीय पक्षांनी खटलो केल्ल्या हक्कां सावन उद्भवपी कितलेशेच मुद्दे टाळपा खातीर, खटल्यांच्या निर्णया वेळारच विशया कडेन संबंदीत अशा सगळ्या मुद्द्यांचो निर्णय घेवंक न्यायालयाची सक्रीय भुमिका आसूंक जाय आनी खंयच्याय खटल्यांत स्पश्ट, निर्विवाद आनी अंमलबजावणी योग्य हुकूम संमत करतले हाची खात्री करूंक जाय – अशे तरेन, व्हड लोकहिता खातीर, न्याय प्रक्रियेचें पालन करूंक, खटले आनी अंमलबजावणी कार्यवाही कडेन संबंदीत सगळ्या न्यायालयांनी कांय सक्तीचे निर्देश जारी करप- तशेंच सगळ्या उच्च न्यायालयांक दिवाणी प्रक्रिया संहितेच्या (सी. पी. सी.) अनुच्छेद 227 आनी सी.पी.सी च्या कलम 122, निर्धारीत अवधींत- दिवाणी प्रक्रिया संहिता, 1908- आदेश, XXI च्या 2, 11, 22, 30 ते 36,

97, 98,99, उपकलम 47, 51 ह्या कलमां खाला दिल्ल्या अधिकारांचो वापर करून जारी केल्ल्या आदेशांचे अंमलबजावणी कडेन संबंदीत सगळ्या नेमांचेर परत विचार करपाचे आनी अद्यावत करपाचे निर्देश जारी करप.

*राजा दुर्भुंगाचे म्हावेवस्थापक विरुद्ध महाराजा कुमार रामपुत सिंग* **(1871 -72) 14 मूर हांचे आय. ए. 605;** *शुभ करण बुबना उर्फ शुभ कर प्रसाद बुबना विरुद्ध सीता सरन बुबना* **(2009) 9 एस. सी. सी. 689: [2009] 14 एस. सी. आर. 40;** घन श्याम दास गुप्ता विरुद्ध अनंत कुमार सिन्हा **ए. आय. आर. 1991 एस. सी. 2251:[1991] 1 पुरवणी एस. सी. आर.119 – चो संदर्भ.**

<u>**केस कायदो संदर्भ**</u>

**(1871- 72) 14 मूरच्या आय. ए. 605 त परिच्छेद 23 चो संदर्भ आसा.**

**[2009] 14 एस. सी. आर. 40 त परिच्छेद 23 चो संदर्भ आसा.**

**[1991] 1 पुरवणी एस. सी. आर. 119 त परिच्छेद 40 चो संदर्भ**

दिवाणी अपील न्यायाधिकार क्षेत्रः दिवाणी अपील क्रमांक 1659 – 1660/ 2021

डब्ल्यू. पी. क्र. 39296/2016 [जी. एम. सी. पी. सी.] आनी डब्ल्यू. पी. क्र.39382/2016 मदल्या कर्नाटक उच्च न्यायालय, बंगळुरू हांच्या तारीख 16.01.2020 च्या न्यायनिर्णय आनी आदेशा वयल्यान.

सयत

दिवाणी अपील क्रमांक 1661- 1662 आनी 1663-1664/2021

बाजू मांडपी पक्षांचे वकील – अरुणव मुखर्जी, शैलेश मदियाल, कुमारी राखी एम., पारस जैन, टी. हरीश कुमार.

न्यायालयान सकयल दिल्ले आदेश पारीत केलेः

<u>आदेश</u>

1. अनुमती दिली.

2. सद्याची अपील कर्नाटक उच्च न्यायालयाच्या 16 जानेवारी 2020 दिसाच्या संयुक्त न्यायनिर्णय आनी आदेशांतल्यान उद्भवता, जाणें कितल्योश्योच रीट याचिका भायर मारिल्ल्यो. दाव्याचे प्रक्रियेंत प्रक्रियात्मक तरतुदींच्या निरंतरच्या  गैरवापराची अस्वस्थताय अधोरेखीत करता, जी न्यायाक निश्प्रभावी थारायता, ते म्हणल्यार, अयशस्वी खटल्यां वरवीं फटींचे आक्षेप मांडप आनी तृतीय पक्ष स्थापीत करप, हुकुमनाम्याचे अंमलबजावणीचेर आक्षेप घेवप, कळाव करप आनी आडमेळीं हाडपाचे यत्न करप.

3. तिसऱ्या प्रतिवादीन (हाचे फुडें 'नारायणम्मा' म्हणून संदर्भीत करप) विक्री लेखी करारा (सेल डीड) वरवीं दिवातिगे रामनहल्ली, म्हैसूर रोड, बंगळुरू हांगासरल्या 1 एकर (सर्वेक्षण क्रमांक 15/2) (हाचे फुडें 'खटलो आशिल्ली मालमत्ता' म्हणून संदर्भीत) मालमत्ता विकत घेतली. खटल्यांतले जमनीचें हस्तांतरण केलें आनी ती बंगळुरूचे नगरपालिका हद्दींत विलीन केली आनी ती म्हैसूर रोड, बंगळुरू हांगा म्हानगरपालिका क्रमांक 327 आनी 328 कडेन दिली. नारायणम्मान म्हानगरपालिकेंतले खटलो आशिल्ले मालमत्तेचो 1908 चौरस भाग (सर्वेक्षण क्रमांक 327) दुसऱ्या आनी तिसऱ्या प्रतिवादींक (हाचे फुडें 'जितेंद्र' आनी 'उर्मिला' म्हणून संदर्भीत) 13.05.1986 हे तारखेच्या विक्री लेखी करारा खाला विकलो. विक्री लेखी कराराक जोडिल्ल्या रेखा चित्रा सयत ताचें सिमांकन केलें. मालमत्तेचो लागसारचो भाग, सर्वेक्षण क्रमांक 327, श्री. मुलेंद्र कुमार गांधी आनी श्रीमती बेबी गांधी हांकां तारीख 13.05.1986 दिसाच्या आनीक एका विक्री लेखी करारा वरवीं विकलो. हे मालमत्तेचें सिमांकनय रेखाचित्रीत केल्लें आनी हें विक्री लेखी करारांत ताचे परिमाण आनी शीम स्पश्ट रितीन दाखयल्यात. ताका लागून, पयले दोन प्रतिवादी, श्री. मुलेंद्र कुमार गांधी आनी श्रीमती बेबी गांधी हे 3871 चौरस यार्डाच्या पुराय आकारमाना सयत खटलो आशिल्ले मालमत्तेचे पुराय मालक जाले. अशे तरेन, नारायणम्मान तिच्या मालकीच्या 1 एकर जमनी पैकीं (43, 860 चौरस फूट) सुमार 34,839 चौरस फूट मालमत्ता विकिल्ली. ताचे उपरांत, हे मालमत्तेचो व्हड भाग पयल्या दोन प्रतिवादींक आनी तांच्या भावांक विकले उपरांत, नारायणम्मान चवथो प्रतिवादी ए. रामचंद्र रेड्डीची आवय (जाका फुडें

‘विक्रेतो’ म्हणलां) तिणें पयल्या दोन प्रतिवादींच्या (जांकां ‘खरेदीदार’ वा ‘हुकूमनामो धारक’ म्हणला) तशेंच श्री. मुलेंद्र कुमार गांधी आनी हेरांच्या विरोधांत ताचे बाजून आशिल्ले दोन विक्री लेखी करार रद्दबातल आशिल्ल्याचो निर्णय जावचे खातीर दावो[1] दाखल केलो. विक्रेते आनी श्री. अंजन रेड्डी (सर्गेस्त प्रतिवादी क्र. 8) हांणी तारीख 25. 03. 1991 दिसा पंजीकृत वांटणी करार केलो. हे दस्तावेज खरेदीदार आनी श्री. मुलेंद्र कुमार गांधी आनी श्रीमती बेबी कुमारी गांधी हांच्या नांवार केल्ल्याचें विक्री लेखी करारांत दाखयना. नारायणम्मान खरेदीदारांक दावो केल्ले मालमत्तेंत प्रवेश करपा सावन एका आदेशा वरवीं आडायिल्ले.

4. निर्णया खातीर खटलो लांबणेर आसतना, पयल्या खरेदीदारांनी ताबो घेवंक विक्रेत्यां आड दोन खटले[2] दाखल केल्ले. हे खटले लांबणेर आसतना, धनजी भाई पटेल आनी गोविंद धनजी पटेल हांणी तारीख 11.02.2000 दिसा दोन वेगळ्या विक्री लेखी करारा वरवीं नारायणम्मा हाचे मालकीचे मालमत्तेचे उरिल्ले मालमत्तेंतल्यान अनुक्रमान 7489 चौरस फूट आनी 7650 चौरस फूट विकत घेतली. अशें आसतना दाखल केल्ले खटले लांबणेर आसतना, विक्रेत्यांनी परत खटलो आशिल्ली मालमत्ता म्हणजे जमीन, सद्याचो अपीलकर्ता (राहूल शाह) आनी हेर तीग जाणांक (प्रतिवादी क्र. 5-7) चार वेगळ्या विक्री लेखी करारा वरवीं विकली. [3]ताब्या संबंदीत आशिल्ल्या खटल्यांत विक्रेत्यांनी प्रतिदावे दाखल केले (तारीख 18. 04. 1998). कार्यवाही लांबणेर आसतना खरेदीदारांनी तांच्या नांवार मालमत्ता हस्तांतरीत करूंक आनी तातूंत बदल करपाची मागणी केल्ली, जी म्हानगरपालिकेन भायर मारली; ताका लागून, तांणी उच्च न्यायालयान रीट याचिका क्र. 19205/1992 दाखल केली, जी मनाय हुकुमाच्या दाव्याच्या अभिनिर्णया (विक्रेत्यांनी दाखल केल्ले) उपरांत *खता* हस्तांतरीत करचो ह्या निर्देशा[4] सयत निकालांत काडली.

5. विक्रेत्यांनी दाखल केल्ल्या मनाय हुकुमाच्या खटल्यांतली कार्यवाही आनी खरेदीदारांनी दाखल केल्ले हेर दोन खटले एकठांय जोडले. बंगळुरू शार दिवाणी न्यायाधिशांनी तारीख 21. 12. 2006 च्या समान निर्णया वरवीं खरेदीदारांनी निवड केल्ल्या ताबो घेवपाच्या खटल्यांक परवानगी दिवन निकाल दिलो आनी मनाय हुकुमा खातीरचो खटलो भायर मारलो. हुकूमनामो

धारकांनी अंमलबजावणीचे कार्यवाहीक प्राधान्य दिलें. [5]तांणी दिवाणी प्रक्रिया संहितेच्या (सी. पी. सी.) आदेश XXI नेम 97 खाला अर्ज दाखल केले कारण न्यायनिर्णीत देणेकारांनी/विक्रेत्यांनी अपीलकर्ता आनी प्रतिवादी क्र. 4 ते 7 हांकां मालमत्ता विकिल्ली. अपीलकर्तान म्हणल्यार ताचे उपरांतच्या खरेदीदारान आक्षेप दाखल केले.

6. कार्यवाही लांबणेर आसतना म्हैसूर रोड, बंगळुरू हांगासल्ल्या म्हानगरपालिका क्रमांक 327, मदल्या खटलो आशिल्ले मालमत्तेचो फुडलो भाग बंगळुरू मॅट्रो प्रकल्पा खातीर संपादन करपाचें थारायलें. हुकूमनामो धारकांनी (पयल्या दोन प्रतिवादींनी) प्रस्तावीत संपादनाचेर आक्षेप घेतलो आनी फुडें ताबो मेळोवपाचो दावो केलो. मजगतीं, खटलो रद्द केल्ल्यान आनी ताबो घेवपाच्या खटल्याचो आदेश दिल्ल्यान निर्शेल्ल्या नारायणम्मान उच्च न्यायालयान प्रथम

[1] ओ.एस. क्र. 986/1987

[2] ओ. एस. क्रमांक. 9077/1996 आनी 9078/1996

[3] तारीख 09. 11. 2001, 12. 12. 2001, 05. 12.2002 आनी 20. 10. 2004

[4] तारीख 05. 11. 1998

[5] अंमलबजावणी केस क्र. 458-459/2007

अपील दाखल केलें[6]. हे कार्यवाहींत खटलो आशिल्ली मालमत्ता ही अपीलकर्तो आनी प्रतिवादी क्र. 4 ते 7 हांकां विकिल्ली हें उच्च न्यायालयाच्या नदरेक हाडून दिल्लें. उच्च न्यायालयान एका आदेशा[7] वरवीं विक्रेत्यांक विक्री, खरेदीदाराचें नांव आनी जें क्षेत्र विकलां ताचे कडेन संबंदीत आशिल्ल्या सगळ्यां विशीं सविस्तर माहिती दिवपाचो निर्देश दिलो. 22. 07. 2010 हे तारखेच्या समान न्यायनिवाड्या वरवीं उच्च न्यायालयान ताचे मुखार लांबणेर आशिल्ली सगळी अपील भायर मारली. विक्रेत्यांनी[8] दाखल केल्ली खास अनुमती याचिका लेगीत ह्या न्यायालयान 23. 07. 2010 दिसा भायर मारली.

7. प्रत्यक्षांत, न्यायचवकशे न्यायलया (ट्रायल कोर्ट) मुखार अंमलबजावणी कार्यवाही प्रलंबित आसताना विक्रेत्यांनी परत श्री. पी. प्रेमचंद, श्री. पारसमल, श्री. केतन एस. शार आनी हेर आनी

गोपिलाल लड्ढा आनी श्री. विनय माहेश्वरी हांच्या नांवान मालमत्ता वेग-वेगळ्या विक्री लेखी करारा[9] वरवीं विकल्यो. विक्रेत्यांनी दाखल केल्ली याचिका ज्या उच्च न्यायालयान भायर मारिल्ली त्या उच्च न्यायालयाचे नदरेक हाडून दिलें.

8. उच्च न्यायालया मुखार कार्यवाही लांबणेर आसतना नारायणम्मा, अपीलकर्ता आनी प्रतिवादी क्र. 4 ते 7 हांणी लुकसाण भरपाय हमीपत्र दाखल केलें आनी खटलो आशिल्ले मालमत्ते संबंदीत प्रकरणांनी कसलोच वाद नाशिल्ल्याचो दावो केलो आनी अधिग्रहीत केल्ल्या भागांच्या संदर्भांत लुकसाण भरपायेचो दावो केलो. हें रीट याचिका क्र. 9337/ 2008 त आदेश संमत केल्ल्या उच्च न्यायालयाच्या नदरेक हाडून दिलें. न्यायालयान सगळ्या सामुग्रीचो विचार केलो आनी विक्रेतो, अपिलकर्ता आनी प्रतिवादी क्र. 4 ते 7 हांकां लुकसाण भरपाय वितरीत करूंक शकना अशें अभिनिर्धारीत केलें. उच्च न्यायालयान तांकां रक्कम जमा करपाचे निर्देश दिले. त्या आदेशा आड अपीलकर्ता आनी उल्लेखीत प्रतिवादींनी अपील केल्ली, जी खंड न्यायाधीश मंडळान भायर मारिल्ली. [10]परिणामी, ताचेर चवकशी केली आनी 01. 08. 2011 दिसा भूंय संपादन अधिकाऱ्यान अपीलकर्ता, विक्रेतो आनी हेरांक रक्कम परत जमा करपाचो निर्देश दिलो. आनीक एक रीट याचिका क्र. 2099/2011[11]त संमत केल्ल्या आदेशा

[6] आर. एफ. ए. क्र. 661-663/2007

[7] तारीख 10.04.208

[8] एस. एल. पी (सी.) क्र. 16349-13651/2010

[9] तारीख 09.11.2001, 12.12.2001, 05.12.2002 आनी 20.10.2004.

[10] तारीख 28. 10. 2009

[11] तारीख 17.07.2013

वरवीं उच्च न्यायालयान हुकूमनामो धारक / खरेदीदारांक तांच्या नांवांन आशिल्ले मालमत्तेचें *खता* हस्तांतरीत करपाचो अधिकार आसा अशें म्हणलें आनी न्यायालयान महसूल अधिकाऱ्या

विरुद्ध चवकशी करपाचो निर्देश दिलो. रक्कम जमा करपा संदर्भांत उच्च न्यायालयाच्या आदेशाचें पालन करूंक नाशिल्ल्यान, तांचेर अवमानाची कार्यवाही केली.

9. उच्च न्यायालयान 19.04.2013 दिसाच्या आपल्या हेर आदेशांत नारायणम्मा आनी प्रतिवादी क्र. 4 ते 7 हांकां रक्कम जमा करपाचे निर्देश दिले. अवमान कार्यवाहींतल्या (सी. सी. सी. क्र. 280/2011) त्या आदेशाक ह्या न्यायालया मुखार खास अनुमती याचिके[12] वरवीं आव्हान दिल्लें जें, 05. 11. 2014 दिसा भायर मारिल्लें. ताचे उपरांत *खतांच्या* हस्तांतरणा खातीर उच्च न्यायालयाच्या निर्देशांचें अनुपालन केल्ल्यान नगरपालिका आनी महसुलाचे नोंदींत हुकूमनामो-धारक / खरेदीदारांचीं नांवां दिसून येतात.

10. हुकूमनामो धारकांनी सुरू केल्ले अंमलबजावणीचे कार्यवाहीक लागून, अपीलकर्ता आनी प्रतिवादी क्रमांक 4 ते 7 हांच्यांनी हाडिल्लीं आडमेळीं लक्षांत घेतल्यार, तारीख 23. 04. 2010 दिसाच्या आदेशा वरवीं पक्षांक न्यायालयांनी पुरावे दिवप गरजेचें आशिल्लें. जेन्ना नेम 97 मदल्या आदेश क्रमांक XXI खाला ऑबस्ट्रक्शन प्रोसिडिंग्स लांबणेर आशिल्ल्यो, तेन्ना न्यायनिर्णीत देणेकार म्हणल्यार विक्रेत्यांनी 2016 त हुकूमनामो धारकां विरुद्ध फौजदारी कारवाय सुरू केली; जाका उच्च न्यायालयान 20.06.2016 दिसा स्थगिती दिली आनी उपरांत 16.03. 2017 दिसा रद्दबातल थारायली. न्यायनिर्णीत देणेकारांनी कांय कागदपत्रां फटीचीं आशिल्ल्याचो आरोप केल्लो. मालमत्ता वळखूंक आनी मेजूंक उच्च न्यायालयान न्यायालयीन आयुक्तांची नियुक्त करपाचे निर्देश दिले. फौजदारी कार्यवाही निकालांत काडटना उच्च न्यायालयाक न्यायनिर्णीत देणेकारांच्या आक्षेपां सयत आयुक्तांचो अहवाल अंमलबजावणी न्यायालयाक धाडपाचो निर्देश दिलो

11. मजगतीं, अंमलबजावणी न्यायालयान एका आदेशा वरवीं बी.बी.एम.पी. च्या तालुका सर्वेक्षकाक न्यायालय आयुक्त म्हणून नियुक्त केल्ले आनी तांकां ते सुवातेर भेट दिवन सर्वेक्षण करून अवैध मालमत्तेची शीम निश्चीत करपाचो निर्देश दिलो. न्यायनिर्णीत देणेकारांनी हो आदेश फाटीं घेवपाची विनवणी केली; आनी तांणी विक्री दस्तावेजां संबंदान हस्ताक्षर तज्ञां कडल्यान न्याय वैजकीय तपासणीचो अहवालय मागोवपाची विनंती केली. हे दोनूय

[12] एस. एल. पी. (सी.) क्र. 18031/2013

पुनर्विलोकन अर्ज भायर मारले; आनी 13.06.2017 दिसा अंमलबजावणी न्यायालयान कागदपत्रांची न्यायवैजकीय तपासणी करपाचो अर्ज भायर मारलो आनी अंमलबजावणेंत आडमेळीं हाडटल्यांचो प्रतिकार लेगीत न्हयंकारले .

12. ह्या सगळ्या आदेशांक लागून, आनी विक्रेते आनी हेरांचे मार्फत पांच रीट याचिका दाखल केल्यो. तशेंच आडमेळीं हाडटल्यांनी तारीख 15.02.2017 दिसाचे अंमलबजावणी न्यायालयाच्या निर्णयाक आव्हान दिवंक प्रथम तीन अपिलांक[13] प्राधान्य दिलें. अपेक्षीत समान आदेशा वरवीं ह्यो सगळ्यो रीट याचिका आनी अपील भायर मारली.

13. अपीलकर्ता (राहूल शाह) हांचे मार्फत श्री. शैलेश मडियाल हांणी ह्या आक्षेपीत आदेशाक लागून पुराय मालमत्तेच्या सर्वेक्षणा संदर्भांत अंमलबजावणी न्यायालयाचो तारीख 23.04.2010 दिसाचो आदेश निश्प्रभावी थारपाचो परिणाम जाता असो युक्तीवाद केलो. अपीलकर्ताच्या वकिलांनी पक्षकारां मदीं शीम आनी मालमत्तेची वळख ह्या संदर्भांत वाद जातात हें दाखोवन दिलें. आदेशाचो संदर्भ दितना, न्यायालयाच्या लक्षांत आयलें, उच्च न्यायालयान हाचें पयलीं रीट याचिकांनी विशेश भूंय संपादन अधिकाऱ्याक चवकशी करपाचे आनी गरज पडल्यार हें प्रकरण भूंय संपादन कायद्याच्या कलम 30 खाला दिवाणी न्यायालयान धाडपाचे निर्देश दिल्लें अशें म्हणिल्लें. हे सगळे तंटे, खास करून, शिमे संबंदीत प्रस्न आनी विवादीत मालमत्तेची व्याप्ती आनी सुवात हांचें अस्पश्ट स्वरूप लक्षांत घेतल्यार, अपील केल्ल्या आदेशांत हस्तक्षेप करपाचो आनी अपीलकर्तान मागलेली थाकाय मंजूर करची. मानादीक कावन्सीलाच्या प्रमाणे 31.10. 2014 दिसाच्या आदेशा वरवीं अंमलबजावणी न्यायालयान चुकून म्हणलें कि निशाणी क्रमांक पी- 26 वयलें रेखाटन हें महसूल अधिकाऱ्यान काडिल्लें, पुण प्रत्यक्षांत ते हुकूमनामो धारकांनी दिल्ल्या हस्तलिखीत रेखा चित्रा वरवीं सादर केल्लें आशिले.

14. हे सगळे कार्यवाहींत हुकूमनामो धारकाचे यत्न हे मालमत्तेची वळख गोंदळांत घालपाचे आसले अशें मानादीक वकिलान सांगलें आनी म्हणून तांणी दोनूय अंमलबजावणी योग्य प्रकरणां एकठांय करपाची मागणी केल्ली; विनंती केल्ल्या ह्या दोनूय प्रकरणांनी अंमलांत हाडपाची

मागणी केल्ली मालमत्ता वेगळी आशिल्ली आनी फुडें दावो केल्ले अधिकार लेगीत वेगळे आशिल्ले असो निश्कर्श काडले उपरांत अंमलबजावणी न्यायालयान ही विनंती न्हयकारली.

15. अपीलकर्ताच्या मानादीक वकिलांनी याचिकेच्या दुसऱ्या संचांत, देखीक, अशे म्हणले की खास अनुमती याचिका (फौ.) क्रमांक 11859 – 11860/2020 आनी खास अनुमती याचिका (फौ.) क्रमांक 11792 – 11793/2020, उच्च न्यायालयान तशेंच अंमलबजावणी न्यायालय हें अशें मानपाक चुकल्यात की, आडमेळीं हाडपी (म्हणल्यार अपीलकर्ता गोपीलाल लढ्ढा) हांणी जाची मागणी केल्ली ते हुकूमनामो धारकांनी खरेदी केल्या उपरांत जें किदें शिल्लक आशिल्लें ताचे परस चड आशिल्ली आनी ताका लागून हस्तांतरण परस्परव्यापी जालें.

16. अपीलकर्ता मार्फत दुसरे याचिकेची बाजू मांडपी श्री. अरुणव मुखर्जी हांणीय हुकूमनामो धारकांनी मालमत्तेच्या वळखी संदर्भांत जाणा जावन गोंदळ निर्माण केल्लो असो श्री. शैलेश मडियाल हांच्या निवेदनाचो पुनरुच्चार केल्लो. हस्ताक्षर तज्ञां कडल्यान कागदपत्रांची न्यायवैजकीय तपासणी करपाची अपीलकर्ताची विनंती भायर मारपाची उच्च न्यायालयाची चूक जाल्ली अशें अधोरेखीत केल्लें. ह्या पैलूं कडेन पुरायपणान दुर्लक्ष केलें कारण अपीलकर्तांनी कागदपत्रांच्या निशाणींची सत्यता आनी सत्यते संदर्भांत गंभीर दुबाव उपस्थीत केल्ले अशें म्हणिल्लें.

17. ह्या न्यायालयान उच्च न्यायालयाच्या निश्कर्शांनी हस्तक्षेप करूंक जायना, अशी विनंती प्रतिवादींनी, हुकूमनामो धारकांनी तांचे भाग खरेदी केल्या उपरांत आनी तांणी दाखल केल्ले खटले लांबणेर आसतना कमीत कमी दोन वेळा आनी तीच मालमत्ता न्यायनिर्णीत देणेकाराक विकून कितलेशेच फावटी वेव्हार केल्ल्याचो पुनरुच्चार मानादीक वकिलांनी केला. हुकूमनामो धारकांचे बाजून अंमलांत हाडिल्लो विक्री करार खरो नासून ते शेणल्यात अशें घोशीत करपाची मागणी न्यायनिर्णीत देणेकारांनी केल्ली. ताचे उपरांत, न्यायनिर्णीत देणेकार आनी कांय आडमेळीं हाडटल्यांनी अधिग्रहीत केल्ल्या मालमत्तेच्या भागाच्या संदर्भांत लुकसाण भरपाय वसूल करूंक यशस्वी जाले. शेवटाक, न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाणें त्यो रकमो वितरीत करच्यो

पडल्यो. न्यायनिर्णीत देणेकारांनी/विक्रेत्यांनी न्याय वैजकीय तपासणेची मागणी केली आनी फौजदारी कारवाय सुरू केली जी, उच्च न्यायालयान रद्द केली. उच्च न्यायालयान हे सगळे परिस्थितीची दखल घेतली आनी मालमत्तांची वळख पटोवपा खातीर आनी मेजपा खातीर न्यायालय आयुक्तांची नियुक्ती आवश्यक आशिल्ल्याचो एक न्याय्य आदेश संमत केलो. अशें करतना, आदले न्यायालय आयुक्त श्री. व्यंकटेश दलवाई हांणी सादर केल्ल्या अहवालां सयत अभिलेखा वयले सगळें साहित्य विचारांत घेवंक कार्यकारी न्यायालयाक सांगलें.

## चर्चा आनी निश्कर्शः

18. विक्रेती आनी तिचो चलो (न्यायनिर्णीत देणेकार) हांणी मालमत्तेच्या व्हडल्या भागाच्या संदर्भांत विक्री लेखी करार अंमलांत हाडले उपरांत, घोशणे खातीर खटल्या वरवीं वेव्हाराचेर प्रस्नचिन्न उपस्थीत केलें हें वयले चर्चेंतल्यान स्पश्ट जाता. हुकूमनामो धारकांनी लेगीत ताब्या खातीर खटलो दाखल केलो. ही कार्यवाही लांबणेर आसतना, विक्री लेखी कराराचे दोन संच अंमलांत हाडले. विक्रेत्यांचो खटलो भायर मारलो-उच्च न्यायालयाच्या पांवड्यार लेगीत बडतर्फीचो हुकूमनामो कायम दवरलो. दुसरें म्हणल्यार, खरेदीदारांचो खटलो निकालांत काडलो आनी तो याचिकेचो विशय जालो. उच्च न्यायालयान पयलीं अपील भायर मारली; ह्या न्यायालयान खास अनुमती याचिका भायर मारली. कार्यवाहीच्या फुडल्या टप्प्या खातीर म्हणल्यार अंमलबजावणी खातीर ही फाटभूंय तयार जाली. अंमलबजावणेची कार्यवाही 14 वर्सां परस चड काळ सुरू आसा. मजगतीं, खटल्याची विशय-वस्तू आशिल्ल्या दस्तावेजांचेर प्रस्नचिन्न उपस्थीत करपी फौजदारी कार्यवाही सयत कितलेशेच अर्ज दवरले. मजगतीं, अधिग्रहीत केल्ले मालमत्तेचो भाग हो भूंय-संपादन कार्यवाही आनी लुकसाण भरपायेच्या वितरणाचो विशय जालो. जो रीट आनी अवमान कार्यवाहीचो विशय जालो. ताचे पैकीं स, उच्च न्यायालयांतले-वेळवार दिल्ले वेग-वेगळे आदेश, रीट याचिका आनी अपिलांचो विशय जाले. हे सगळे एकत्रीतपणान हाताळ्ळे आनी समान आक्षेपीत आदेशा वरवीं निकालांत काडले.

19. समान आक्षेपीत आदेशाचो अभ्यास केल्यार अशें दिसता, उच्च न्यायालयान कश्ट घेवन सगळ्यो कार्यवाही क्रमा प्रमाणें केल्यो आनी तांचे निकाल सुचीबद्ध केले. आक्षेपीत आदेशांतले निमाणे निर्देश सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसातः

*(अ) न्यायनिर्णीत देणेकार आनी हेर हस्तक्षेपकांक अंशता लाभ दिल्ल्यान अंमलबजावणी न्यायालयान डिलिवरी वॉरण्ट काडपाचे आक्षेपीत आदेश फाटीं घेवन, प्रकरण हें नव्यान विचारांत घेवंक न्यायालय आयुक्ता सारकेल्ले तज्ञ व्यक्ती/अधिकाऱ्याची नेमणूक, हुकूमनाम्यांतले मालमत्तेची पळोवणी आनी मेजणी सगळ्या भागधारकांच्या सहभागान, ते सगळो खर्च आनी शुल्क समान रितीन वांटून घेतले, हे अटीचेर पुराय करूंक परत धाडटा;*

*(ब) न्यायालय आयुक्त श्री. व्यंकटेश दलवाई हांणी आदींच सादर केल्ल्या अहवाला सयत आतां मेरेन अभिलेखा वयले पुराय पुरावे सामुग्री विचारांत घेवंक कार्यकारी न्यायालया खातीर मेकळे आसात,*

*(क) आदीं पासून ठेवींत आशिल्ली रक्कम आनी वयल्या परिच्छेद 8 त नमूद केल्ल्या ह्या न्यायालयाच्या समन्वय खंडपिठांच्या आदेशा प्रमाणें आडमेळीं हाडटल्यांनी जमा करपाची रक्कम, अंमलबजावणी याचिकेंत जिखिल्ल्या संबंदीत पक्षांक जारी करतले;*

*(ड) याचिकेचो निकाल किदेंय आसूं; न्यायनिर्णीत देणेकार संयुक्तपणान हुकूमनामो धारकांक एकत्रीतपणान 5, 00,000/- (पांच लाख रुपया) चो उदाहरणीय खर्च निकाल किदेंय आसूं; आठ सप्तकांचे कालावधींत दरेके अंमलबजावणी याचिकेंत दितले, आनी, ते प्रमाणें रक्कम दिवंक ना जाल्यार, तांकां कनिश्ठ न्यायालयाच्या मानादीक न्यायाधीशाच्या विवेकबुद्धी प्रमाणें अंमलबजावणीचे कार्यवाहींत वांटेकार जावपा सावन वगळावपाची जोखीम आसतली ; आनी,*

*(ई) अंमलबजावणी याचिका निकालांत काडप हाचे सयत पुराय प्रक्रिया स म्हयन्यांच्या उच्चतम मर्यादेंत पुराय करतले आनी अशे कामगिरीच्या अनुपालनाचो अहवाल ह्या न्यायालयाच्या म्हाप्रबंधकांक दितले.*

*हस्तक्षेपकां खातीर खर्चा बाबत कसलेच आदेश नात.*

**सय-**

**न्यायाधीश**

20. खास अनुमती याचिकेंतलो युक्तीवाद हो मुखेलपणान मालमत्ता आनी शीम आदीच्या वळख पटोवपाच्या आनी न्यायवैजकी तपासणीचे अधीन आशिल्ल्या कागदपत्रांच्या संदर्भांत कार्यकारी न्यायालयाच्या आदींच्या एक वा हेर आदेशांचेर केंद्रीत आसा. उच्च न्यायालयान न्याय्य द्दश्टीकोण स्विकारला, जातूंत केस चलोवपी न्यायालयान खटल्यांतले मालमत्तेची वळख तपासूंक न्यायालय आयुक्तांची नियुक्ती करप आनी आदींच्या थळाव्या आयोगाच्या अहवाला सयत अभिलेखीत पुराव्यांचो विचार करप आवश्यक आसा, हें निमाण्या आदेशाच्या वाचना वयल्यान स्पश्ट जाता. हाचें अवलोकन करूंक सध्याच्या अपीलकर्ताचे युक्तीवाद निराधार आनी कसलीच सक्ती नाशिल्लो आसा. दस्तावेजांची न्यायवैजकी तपासणी करची ही कागाळ परत निराधार आशिल्ल्याचें न्यायालयाक दिसलां. अंमलबजावणेचे कार्यवाहीच्या प्रलंबीत कालावधींत - 2016त, सुरू जाल्ली फौजदारी कार्यवाही रद्द केल्यो. कागदपत्रां अस्सल नात वा तातूंत किदें तरी दुबावीत आसा असो युक्तीवाद हो फकत अंमलबजावणी थांबोवपाचो आनी अनुचीत फायदो घेवपाचो आनीक एक यत्न आशिल्ल्याचें दिसता. परिणामी, उच्च न्यायालयान न्यायवैजकी तपासणीचो आदेश दिवंक योग्य रितीन न्हयकार दिलो. एकूण परिस्थिती लक्षांत घेवन 5 लाख रुपया (न्यायनिर्णीत देणेकारान पालन करप) खर्च दिवपाचो निर्देश रास्त आसा, आनी हुकूमनामो धारका वरवीं तांकां मेळिल्लो निकाल फळादीक थारचो न्हय हाची खात्री करूंक जायते यत्न केल्ले अशें ह्या न्यायालयाचें मत आसा. परिणामी, खर्च भरपाचो निर्देश न्याय्य आनी योग्य थारता.

21. उच्च न्यायालयान अंमलबजावणी न्यायालयाक स म्हयन्यां भितर प्रक्रिया पुराय करपाचो निर्देश दिला. त्या निर्देशाची पुश्टी करतात. पक्षकारांनी अंमलबजावणी न्यायालयाक सहकार्य करपाचो निर्देश दिला; जरी न्यायालयाक कांय आडखळी वा असहकाराचो अणभव आयल्यार

न्यायालय स्वंयच्याय पक्षाक एकतर्फी थारावपाच्या आनी फुडें वचपाच्या वा योग्य तो चड खर्च लादपाच्या अधिकारां सयत आपल्या अधिकारांचो वापर करूंक शकता. ताका लागून, वयल्या निरिक्षणांक लागून अपील भायर मारूंक पात्र आसा.

22. हुकूमनाम्याची अंमलबजावणी करपाचे प्रक्रिये वेळार जाल्ल्या हिसपा भायल्या कळावाक लागून खटल्याचें फलीत हुकूमनामो धारकाक उपभोगूंक मेळूंक नाशिल्ल्यान जावपी आडमेळ्यांचें चित्रण अपील करता. तारीख 31.12.2018 मेरेन, 11,80,275 अंमलबजावणी याचिका अधीनस्थ न्यायालयांत प्रलंबीत आशिल्ल्यो. अंमलबजावणी याचिकांच्या निकालांत जाल्लो कळाव कमी करूंक कांय सुदारात्मक उपाय-योजना करच्यो अशें ह्या न्यायालयाचें मत आशिल्ल्यान, आमी कांय सुचोवण्यो प्रस्तावीत केल्यात, ज्यो प्रतिसादा खातीर पक्षकारांच्या विद्वान वकिलांक सादर केल्यात. आमी याचिकाकर्तांचे विद्वान वकील श्री. शैलेश मडियाल आनी प्रतिवादीचे विद्वान वकील श्री. पारस जैन हांचें म्हणणें आयकलें.

23. आदेशांची वेळार अंमलबजावणी आनी हुकूमनाम्याची अंमलबजावणी थांबोवन, अन्याय थांबोवपा खातीर दिल्ल्या उपायांचो, प्रत्यक्षांत अन्याय करूंक गैरवापर करतात, अशें निरिक्षण ह्या न्यायालयान परत परत नोंद केलां. 1872 वर्सा, ***द जनरल मॅनेजर ऑफ द राजा दुर्भुंगा विरुद्ध महाराजा कुमार रामपुत सिंग*** (1871-72) 14 मूरचो आय. ए. 605 हे केशींत, प्रिव्ही कावन्सीलान हाचेर चर्चा केल्ली, जातूंत भारतांतल्या पक्षकाराच्यो वास्तवीक आडखळी तांणी हुकूमनामो प्राप्त केल्या उपरांत सुरू जातात, अशें म्हणिल्लें. ह्या न्यायालयान ***शुभ करण बुबना @ शुभ करण प्रसाद बुबना विरुद्ध सीता सरन बुबना***(2009) 9 एससीसी 689 हे केशींत अशेंच निरिक्षण केलां, जातूंत तांणी विधी आयोग आनी संसदेन अश्या तरतुदीं कडेन लक्ष दिवंक जाय अशी शिफारस केल्या, जाका लागून निराशाजनक आशिल्ली अंमलबजावणी यशस्वी जावप शक्य जातली. खटल्याच्या निर्णयाचें नियमन करपी दिवाणी प्रक्रिया संहिता, 1908 हातूंत अशीं सुदारणां सुनिश्चीत करूंक विधी आयोग वा संसदेन योग्य शिफारशी अंमलांत हाडूंक जाय, जाका लागून खटल्याच्या निर्णयाची प्रक्रिया सुरू जावपाच्या टप्प्या पसून अंमलबजावणीचे कार्यवाही उपरांत थाकाय मेळपाच्या टप्प्या मेरेन सुरू उरतली, अशें मत न्यायालयान व्यक्त केलें.

अंमलबजावणेची कार्यवाही, जिका न्यायाची दासी मानतात आनी न्यायाची सेवा करता, ती प्रत्यक्षांत न्यायांत आडखळ हाडूंक सहजपणान गैरवापर करूं येता अशीं साधनां जाल्यांत.

24. हुकूमनाम्याचे अंमलबजावणी संदर्भांत, दिवाणी प्रक्रिया संहितेचें (सी.पी.सी.) 47 कलम, हुकूमनाम्याची अंमलबजावणी, तो काडून उडोवप वा ताची पुर्तता करपा संबंदीत मुद्द्यांच्या मर्यादीत स्वरुपाच्या अभिनिर्णयाचो विचार करता, आनी आदेश XXI च्या परिणामी तरतुदीं कडेन सुसंगत आसा. खटल्यांची भोव संख्या आडावप हो कलम 47 चो उद्देश आसा. हें फकत कार्यपद्धती आनी जे वरवीं न्यायालय निर्णयाचेर पावता ताचें स्वरूप मांडटा. हें कलम लागू करपा खातीर दोन आवश्यक बाबी लक्षांत दवरच्यो पडटल्यो. पयली, निर्माण जावपी सगळे प्रस्न पक्षकारां मदले आसप आवश्यक आसा आनी दुसरी म्हणल्यार, हो वाद हुकूमनाम्याची अंमलबजावणी, तो काडून उडोवप वा ताची पुर्ती हांचे कडेन संबंदीत आसचो. अशे रितीन, नाका आशिल्ले खटले थांबोवप आनी सगळे आक्षेप शक्य जाता तितले बेगीन निकालांत काडप हो 47 कलमाचो उद्देश आसा.

25. हुकूमनाम्याचे अंमलबजावणे खातीर, अंमलबजावणी न्यायालयान हुकूमनाम्याचें पेल्यान वचूंक जायना, अशें हे तरतुदींत नमूद केलां. पूण, अंमलबजावणे वेळार फेर-न्यायचवकशी सारके कार्यवाहींत सातत्यान वाड जाता, जाका लागून पक्षकारांचे बाजून हुकूमनामो आसून लेगीत तांणी न्यायालया कडल्यान जें हुकूमनाम्याचें फलीत आनी थाकाय मागल्या ताची पुर्तता करूंक अपेस येता. अंमलबजावणी न्यायालया मुखार विविध आक्षेप दाखल करतात आनी हुकूमनामो धारक खटल्याच्या फलिता पासून वंचीत उरता आनी न्यायनिर्णीत देणेकार, कायद्याचे प्रक्रियेचो गैरवापर करून, ताका त्या विशय-वस्तूचो लाभ घेवपाची परवानगी दितात, जाचो तो हरशी हक्कदार ना, अशें अणभवांतल्यान दिसून येता.

26. सगळ्या अंमलबजावणी अर्जांनी, न्यायालय पयली कारणां दाखय नोटीस जारी करून विशिश्ट वर्गांतल्या प्रकरणां खातीर आदेश XXI नेम 22 प्रमाणें हुकूमनाम्याची अंमलबजावणी किद्याक करची न्हय, हें न्यायनिर्णीत देणेकाराक विचारतात, अशी अधीनस्थ न्यायालयांत प्रचलीत आशिल्ली सामान्य प्रथा आसा. पूण, हाचो खूब फावटीं नवे न्यायचवकशेची सुरवात

असो चुकीचो अर्थ लायतात. देखीक, न्यायनिर्णीत देणेकार केन्ना केन्ना मौखीक प्रतिकथन दाखल करूंक आदेश XXI नेम 2 आनी आदेश XXI नेम 11 च्या तरतुदींचो गैरवापर करता, जाका लागून न्यायालया कडेन मौखीक पुरावो अभिलेखप हें सोडून दुसरो खंयचोच पर्याय उरना, जो क्षुल्लक आसूंक शकता. हे खातीर, अंमलबजावणी कार्यवाही अनिश्चीत काळा खातीर लांबत वता.

27. हें दिवाणी प्रक्रिया संहिता योजनेच्या सामकें विरोधांत आसा, जातूंत दिवाणी खटल्यांत उद्भवू शकपी सगळे प्रस्न आनी मुद्दे एकेच न्यायचवकशेंत सोडोवप आवश्यक आसा, अशें नमूद केलां. जायत्या प्रकारच्यो कार्यवाही टाळपाच्या उद्देशान खटल्यांतले पक्षकार आनी खटल्यांचे रचने कडेन संबंदीत आशिल्लो आदेश I आनी आदेश II हातूंत पक्षकारांच्या आनी वादकारणांच्या संयोजनाची तरतूद आसा, जाका लागून कायदो आनी तथ्यांचे समान प्रस्न एकाच वेळार थारावं येता.

28. आदेश I नेम 10 (2), न्यायालयाक जे व्यक्तीक वादी म्हणून वा प्रतिवादी म्हणून सामील करूंक घेवंक जाय आसले वा खटल्यांत गुंतिल्ल्या सगळ्या प्रस्नांच्या परिणामकारक रितीन आनी पुरायपणान अभिनिर्णय करूंक ते निकालांत काडप न्यायालयाक शक्य जावंक जे व्यक्तीची न्यायालया मुखार हाजिरी आवश्यक आसतली अशे खंयचेय व्यक्तीचें नांव जोडपाचो अधिकार दिता. फुडें, आदेश XXII नेम 10 हातूंत अशी तरतूद आसा की एकाद्रो खटलो प्रलंबीत आसतना खंयच्याय हीत-संबंदांचें हस्तांकन, निर्मिती वा प्रक्रांती जाल्यार, जे व्यक्ती कडेन असो हीत-संबंद आयला वा प्रक्रांत जाला आसतलो, ते व्यक्तीक वा तिचे विरुद्द, न्यायालयाचे परवानगेन, खटलो चालू दवरूंक मेळटलो.

29. आदेश XXI च्या नेम 30 ते 36 अंतर्गत दिवाणी प्रक्रिया संहिता (सी.पी.सी.) हातूंत विविध हुकूमनाम्याचे अंमलबजावणेची तरतूद आसा, आनी अंमलबजावणेच्यो पद्दती सगळ्यां खातीर समान आसात. दिवाणी प्रक्रिया संहितेच्या (सी.पी.सी.) कलम 51 हातूंत मालमत्तेच्या वितरणा वरवीं; खंयचीय मालमत्ता जप्त करून आनी तिची विक्री करून; अटक करून आनी दिवाणी बंदखणींत घालून; प्रापकाची नेमणूक करून, वा ज्या प्रकारची वाड मंजूर केल्या तिच्या स्वरुपा

प्रमाणें आवश्यक आसतली अशे हेर खंयचेय पद्दतीन अंमलबजावणेच्या पद्दतींची वळेरी आसा. ते शिवाय, आदेश XL नेम 1, न्यायालया वरवीं प्रापकांची नियुक्ती करपाची तरतूद करता. योग्य प्रकरणांत, हुकूमनामो मंजूर जाल्या उपरांत रोखडेंच प्रापकाक मालमत्तेचो कब्जो, अभिरक्षा आनी/वा वेवस्थापन दिवं येता. अशे अभिव्यक्तीक लागून मालमत्तेचें संरक्षण आनी जतन करूंक मजत जाता. दिवाणी प्रक्रिया संहितेचे (सी.पी.सी.) चौकटेंतली ही प्रक्रिया अंमलबजावणी न्यायालयाक हुकूमनाम्या प्रमाणें मालमत्ता सुपूर्द करूंक मजत करूंक शकता.

30. खंयचेय अचल संपत्ती वितरणा खातीरच्या हुकूमनाम्या विशीं, आदेश XXI नेम 35 हातूंत अशी तरतूद आसा की, ज्या पक्षा कडेन ताचो निर्णय घेतला, त्या पक्षा कडेन वा ताचे वतीन वितरण प्राप्त करूंक तो नियुक्त करूंक शकतलो अशे व्यक्तीक आनी आवश्यक आसल्यार, मालमत्ता रिती करूंक न्हयकार दिवपी हुकूमनाम्यांत बांधील आशिल्ले खंयचेय व्यक्तीक काडून उडोवन ताचो ताबो दितले.

31. न्यायालया मुखार विशिश्ट पक्षां मदीं न्यायचवकशी सुरू आशिल्ल्यान आनी उपलब्ध युक्तीवादांचेर आदारीत आशिल्ल्यान, अंमलबजावणे वेळार ताब्यांत घेवचे पयलीं, केन्ना केन्ना मालमत्तेचें अस्पश्ट वर्णन अस्सल वा क्षुल्लक तृतीय-पक्षाच्यो समस्या उपस्थीत करता. एकाद्री व्यक्ती जी खटल्यांत पक्षकार ना, ती केन्ना केन्ना स्वतंत्र हक्क वा हीत-संबंदाचो दावो करता, जाका लागून नव्या समस्यांचें निराकरण करपाची आवश्यक निर्माण जाता.

32. विशयांतले मालमत्तेचेर खरे दावे आसूंक शकतात, पूण हुकूमनामो धारकाक हुकूमनाम्याचो लाभ घेवपा पसून वंचीत दवरूंक क्षुल्लक वा प्रवृत्त आशिल्ले दावे आसूंक शकतात, हें लेगीत संहिता मान्य करता. आदेश XXI च्या नेम 98 च्या उपनेम (2) हातूंत अश्या परिस्थितींचो विचार केला आनी न्यायनिर्णीत देणेकारान वा ताचे वतीन वा हस्तांतरणकर्तान, जंय खटलो प्रलंबीत आसा वा अंमलबजावणीचे कार्यवाही वेळार अशें हस्तांतरण केल्लें, खंयच्याय न्याय्य कारणा शिवाय प्रतिकार वा आडखळ हाडिल्ले खातीर दंडात्मक परिणामांची तरतूद करतले. पूण, कायद्याच्या प्रसंभावीक प्रक्रिया गैरवापर करपाच्या अशा कृत्यांक क्वचितूच न्यायनिर्णीत

देणेकाराक वा ताचे वतीन काम करपी हेर खंयचेय व्यक्तीक दिवाणी बंदखणींत धाडून न्याय दितात.

33. अचल संपत्ती ताब्याच्या हुकूमनाम्याचे अंमलबजावणीचो संबंद वाचूंक मेळचो म्हणून दुहेरी आक्षेपांचो उल्लेख करप योग्य थारतलो. आदेश XXI नेम 97 खाला, हुकूमनामो धारक प्रतिबंद दाखयत न्यायालयांत वचूंक शकता आनी मालमत्तेचो ताबो दिवंक हुकूमनामो अंमलांत हाडूंक प्रतिबंद हाडप्यां कडेन वेव्हार करूंक न्यायालयाचो आदेश पारीत करपाची आवश्यक आसता, आनी आडखळ हाडपी लेगीत अशे पद्दतीन नवे मुद्दे उपस्थीत करून आक्षेप घेवंक शकता, जे निश्चीत करूंक बरोच वेळ घेता.

34. पूण, आदेश XXI नेम 99 खाला, ही मातशी बरी स्थिती आसा, जातूंत न्यायनिर्णीत देणेकारा भायर एकाद्री व्यक्ती जेन्ना अशे मालमत्तेच्या ताब्या खातीर हुकूमनामो धारका वरवीं अचल मालमत्ते पसून बेदखल जाता, तेन्ना आक्षेपां सयत अर्ज दाखल करता. अशा आक्षेपांक लागून परत न्यायचवकशी जाता, पूण आक्षेप आदींच बेदखल जाल्ल्यान, आदेशाची अंमलबजावणी अदीक संभाव्य आनी जलद गतीन जाता. आदेश XXI नेम 97 हातूंत आडखळ हाडपी विविध आक्षेप घेवन येता, जे आदर्शपणान खटल्याच्या अभिनिर्णयाच्या वेळार उपस्थीत करूंक जाय. न्यायालयीन आयुक्तांची नियुक्ती योग्य वेळार केल्यार अंमलबजावणेच्यो अश्यो आडखळ्यो टाळूं येतात.

35. वयर नमूद केल्ल्यो कायदेशीर गुंतागुती, अंमलबजावणीचे कार्यवाहीची मोटी प्रलंबितता आनी अंमलबजावणीचे आदेशिकेचे प्रक्रियेचो गैरवापर करपाच्या मोट्या घटनांचो विचार केल्या उपरांत, आमचें अशें मत आसा की, विवाद टाळूंक आनी तृतीय पक्षांनी दावो केल्ल्या अधिकारांक लागून उद्भविल्ल्या सामक्या त्रासदायक प्रस्नाचे अनेक मुद्दे टाळूंक, न्यायालयान खटल्याचो निकाल दितना विशया कडेन संबंदीत अशा सगळ्या मुद्द्यांचेर निर्णय घेवंक सक्रीय भुमिका घेतल्या आनी खंयच्याच खटल्यांत स्पश्ट, अस्पश्ट नाशिल्लो आनी अंमलबजावणी करपा योग्य हुकूम पास करतले हाची खात्री करूंक जाय.

36. त्या संदर्भांत कांय उपाय-योजनांनी अशें समाविश्ट आसतलें की, समस्यांचेर उपाय काडपा पयलीं, न्यायालयान, मालमत्तेच्या वितरणा कडेन संबंदीत वा ताचे कडेन संबंदीत खंयच्याय अधिकारा कडेन संबंदीत प्रकरणांत, आदेश XI नेम 14 खाला, खंयचेय त्रयस्थ व्यक्तीच्या हक्कांच्या अस्तित्वा कडेन संबंदीत घोशणा, तांणी तयार केल्ल्या खटल्याचे मालमत्तेंतल्या व्याज वा तांचे माहिती कडेन संबंदीत कागदपत्रां सादर करपाचे आदेश दिवन, अधिकारांचो वापर करूंक जाय. हें खटल्याचे सुरवातीच्या टप्प्याचेर त्रयस्थ व्यक्तीच्या आरोपपत्राचेर निर्णय घेतना न्यायालयाक मजत करतले, जाका लागून आवश्यक पक्षांच्या गैर-प्रतिवादा कडेन संबंदीत भविश्यांतलो खंयचोय वाद टाळूंक मेळटलो. हाका लागून, शेवटाक खंयचेय अचल संपत्तीचो समावेश आशिल्लो खटलो बेगिनूच निकालांत काडप सुविधेचें जातलें.

37. मालमत्तेची स्थिती कशी आसा आनी ताबो विवादीत नासतना, प्रतिवादी व्यतिरिक्त खटल्यांतले मालमत्तेचो खंयचो भाग कोणाचो आनी खंयचो भाग ताब्यांत आसा, हें निर्धारीत करप लेगीत न्यायचवकशे खातीर आवश्यक थारता. अशे रितीन, न्यायालय फुडली कारवाय लेगीत करूंक शकता.

अ. सी. पी. सी. च्या आदेश XXVI नेम 9 खाला आयोग स्थापना जारी करप.

खटल्याचे स्थापनेचेर आयोगा वरवीं केल्लो निर्णय, सगळ्या पिडीत पक्षांक खटल्यांत आवश्यक पक्षकार म्हणून सामील करप, हे सारकीं आवश्यक पावलां उबारपा खातीर मुल्यांकन आनी मुल्यमापन करूंक न्यायालयाक आवश्यक सहाय्य प्रदान करतले. समस्यांची निपटावणी करचे पयलीं, न्यायालय मालमत्तेचें स्वरूप आनी वेवसाया सयत मालमत्तेचें अचूक वर्णन आनी सिमांकन अभिलेखना वयल्यान स्थानीक तपास करपाच्या उद्देशान आयुक्तांची नियुक्त करूंक शकता. हाचे भायर, खटलो प्रलंबीत आसतना वा हुकूम पारीत करतना, मालमत्तेची स्थिती सुरक्षीत दवरूंक न्यायालय आदेश XL नेम 1 खाला प्राप्तकर्ताची नियुक्त लेगीत करूंक शकता.

ब) खटल्याचे मालमत्तेचो ताबो आशिल्ली खंयचीय व्यक्ती वा खटल्याचे मालमत्तेचो ताबो आशिल्ल्याचो दावो करपी खंयचीय व्यक्ती वा तिका हे मालमत्तेचेर खंयचोय अधिकार, मालकी हक्क वा हीत-संबंद आसा, अशें नमूद करपी भौशीक कळोवणी जारी करात, जातूंत खास करून अशें नमूद करतले की, जरी ह्या टप्प्याचेर आक्षेप घेवंक ना जाल्यार, खंयच्याच पक्षाक उपरांत ताचे कडेन वा तिचे कडेन आशिल्ल्या खंयच्याच दाव्याच्या संदर्भांत कसलोच आक्षेप घेवंक परवानगी मेळची ना.

क) अशी कळोवणी उल्लेखीत मालमत्तेचेर दसोवप.

ड) खटलो क्रमांक आनी हेर निर्दिश्टीत करपी अशी कळोवणी जारी करात आनी ज्या न्यायालयांत ती प्रलंबीत आसा, त्या खटल्याचे मालमत्तेचो तपशील आसपावीत करात आनी ती न्यायालयाच्या अधिकृत संकेतथळाचेर प्रकाशीत करात.

38. आयुक्तांच्या अहवालाच्या वा त्या संदर्भांत केल्ल्या अर्जाच्या आदाराचेर, न्यायालय आदेश I नेम 10 खाला आवश्यक वा योग्य पक्षांची भर घालूंक फुडें वचूंक शकता. न्यायालय आदेश I नेम 10 खाला सत्तेचो वापर करून पक्षकार म्हणून सामील जाल्या उपरांत विरोधकांक वा दावेदारांक परवानगी दिवंक शकता, आदेश II नेम 3 खाला संयुक्त आदेश दिवंक शकता, अशा पक्षांक कागदपत्रां आनी साक्षिदारांच्या वळेऱ्यां सयत लेखी निवेदन दाखल करपाची आनी दाव्या सयत फुडें वचपाची परवानगी दिवंक शकता.

39. जरी वयर सुचयल्लो मार्ग स्विकारलो आनी ते उपरांत हुकूमनाम्याचे अंमलबजावणेच्या टप्प्याचेर सी. पी. सी. च्या आदेश XXI नेम 97 वा नेम 99 खाला “खटल्याचे मालमत्तेच्या” संदर्भांत आक्षेप प्राप्त जालो, जाल्यार न्यायचवकशी सुरू आसतना, खास करून खटल्याच्या वेळार जारी केल्ले भौशीक सुचोवणेचे फाटभुंयेचेर, असो खंयचोच आक्षेप वा दावो प्राप्त जावंक ना ही वस्तुस्थिती मतींत घेवन अंमलबजावणी न्यायालय ताचेर कारवाय करतलें. आदेश XXI

नेम 97 वा नेम 99 खाला अशे दावे बारीकसाणेन हाताळूंक जाय आनी ते क्वचितूच विचारांत घेवंक जाय/स्विकारूंक जाय.

40. ***घन श्याम दास गुप्ता विरुद्ध अनंत कुमार सिन्हा ए. आय. आर. 1991 एससी 2251*** हे केशींत, ह्या न्यायालयान अंमलबजावणे संदर्भांत संहितेच्यो तरतुदी हेर कायद्यांनी सामान्यपणान उपलब्ध आशिल्ले न्यायीक गुणवत्ते परस उच्च दर्जाच्यो आसात आनी फकत न्याय प्रशासनाची जापसालदारकी दिल्ल्या न्यायाधिशां कडल्यान अदीक बरें काम करप अपेक्षीत आसा अशें निरिक्षण केलां. वेव्हारीक दृश्टीकोण आनी न्यायीक अर्थावण्यां सयत, न्यायालयान, न्यायनिर्णीत देणेकाराक वा खंयच्याय व्यक्तीक आदेशाचे अंमलबजावणेक कळाव करपा खातीर फुसलावपी वा सादो दावो करपी परवानगी दिवची न्हय. देखीक, पयशाच्या दाव्या कडेन संबंदीत खटल्यांनी, न्यायालय फिर्यादीच्या अर्जाचेर वा कलम 151 खाला आशिल्ल्या अधिकारांचो वापर करून स्वताच्या प्रस्तावाचेर, अशे परिस्थितींत, दावो फुडें वच्चे आदीं प्रतिवादीक सुरक्षा प्रदान करपाचे निर्देश दिवंक शकता. हातूंतल्या खंयच्याय निर्देशांक पाळो ना दिवपाचे परिणाम आदेश XVII नेम 3 हातूंत मेळूंक शकतात.

41. वयली फाटभूंय मतींत घेतल्यार, जातूंत अंमलबजावणेचे कारवायेंतलो कळाव कमी करपाची ताकतिकेची गरज आसा, पुराय न्याय दिवपा खातीर कांय निर्देश जारी करप आमकां योग्य दिसता. हे निर्देश व्हडा प्रमाणांत लोकहिता खातीर भारतीय संविधानाच्या कलम 141 आनी कलम 144 सयत वाचन केल्ल्या कलम 142 खाला आमच्या अधिकारक्षेत्राचो वापर करतात, जाका लागून न्यायाचे प्रक्रियेक आदार मेळटलो, जाका लागून आदेशाच्या फळाची वाट पळयत आशिल्ल्या पक्षांक सामकारा वच्चें पडपी खटल्यांक गरज नाशिल्ली अग्नीपरिक्षा दिवची पडची ना आनी कायद्याचे प्रक्रियेचेर दावेदारांच्या विस्वासाचेर परिणाम जातलो.

42. खटले आनी अंमलबजावणेची कारवाय हाताळपी सगळीं न्यायालयां सकयल दिल्ल्या निर्देशांक सक्तीन पाळो दितलीं:

1. ताब्यांत दिवपाच्या संबंदीत खटल्यांनी, न्यायालयान आदेश X खाला तिसऱ्या पक्षीय हीत-संबंदांच्या संबंदान आशिल्ल्या खटल्यांतल्या पक्षांचें परिक्षण करूंक जाय.

2. आदेश XI नेम 14 खाला अधिकारांचो वापर करूंक जाय, जातूंत पक्षांक सोपूत घेवन कागदपत्रां उकतीं करूंक आनी सादर करूंक सांगतले, जातूंत अश्या मालमत्तांनी तिसऱ्या पक्षाच्या हीत-संबंदां कडेन संबंदीत घोशणेचो आसपाव आसतोलो.

3. योग्य प्रकरणांनी, जंय ताबो वादांत आसचो ना आनी न्यायालया मुखार न्यायनिवाड्या खातीर वस्तुस्थितीचो प्रस्न आसचो ना, थंय न्यायालय मालमत्तेचें अचूक वर्णन आनी स्थितीचें मुल्यांकन करपा खातीर आयुक्ताची नेमणूक करूंक शकता.

4. आदेश X खाला पक्षकारांची तपासणी केल्या उपरांत वा आदेश XI खाला दस्तावेज सादर केल्या उपरांत वा आयोगाचो अहवाल मेळ्ळ्या उपरांत, न्यायालयान खटल्यांत सगळे तरेचे गरजेची वा योग्य पक्षकारांची भर घालप आवश्यक आसा, जाका लागून कारवायेची भोवसंख्या टाळूं येता आनी त्याच खटल्यांत कारवायेचें कारण सांगपाचीय गरज पडूं येता.

5. दिवाणी वेव्हार संहितेच्या आदेश XI नेम 1 खाला, ह्या प्रकरणाच्या योग्य निर्णया खातीर संरक्षक विधी म्हणून संबंदीत मालमत्तेचे स्थितीचेर देखरेख दवरपा खातीर न्यायालय प्रापकाची नेमणूक करूंक शकता.

6. न्यायालयान आदेश हुकूमनामो संमत करचे पयलीं, संबंदीतः

7. मालमत्तेच्या ताब्याचें हस्तांतरण हें सुनिश्चीत करता की, हुकूमनामो स्पश्ट आसा जाका लागून तातूंत फकत मालमत्तेचें वर्णनूच न्हय तर मालमत्तेचे स्थितीचो पसून विचार करतले.

8. पयश्यांच्या खटल्यांत, न्यायालयान सदांच आदेश XII नेम 11 चो वापर करूंक जाय, जाका लागून तोंडी अर्जाचेर पयशे भरपा खातीर आदेशाचे ताकतिकेचे अंमलबजावणेची खात्री जाता.

9. पयशे भरपा खातीरच्या खटल्यांत, वादाच्या मुद्द्यांचेर उपाय सोदपा आदीं, जे मर्यादे मेरेन ताका खटल्यांत जापसालदार धरतात, प्रतिवादीक सोपूत घेवन ताची मालमत्ता उकती करची पाडूंक शकता. न्यायालय फुडें, खंयच्याय पांवड्यार, खटलो प्रलंबीत आसतना योग्य प्रकरणांनी,

सी.पी.सी. च्या कलम 151 खाला अधिकारांचो वापर करून, खंयच्याय आदेशाचें समाधान सुनिश्चीत करपा खातीर सुरक्षेची मागणी करूंक शकता.

10. कलम 47 खाला वा सी.पी.सी. च्या आदेश XII खाला अधिकार क्षेत्राचो वापर करपी न्यायालयान यांत्रीक पद्दतीन अधिकारांचो दावो करपी तिसऱ्या पक्षाच्या अर्जाचेर नोटीस जारी करूंक जायना. हे भायर, न्यायालयान अशा खंयच्याच अर्जाचेर (अर्जांचेर) सुनावणी करप टाळूंक जाय जाचेर न्यायालयान खटल्याचो निकाल दितना आदींच विचार केला वा जाणें असो खंयचोय मुद्दो उपस्थीत केला जो अर्जदारान योग्य ती जतनाय घेतली जाल्यार खटल्याच्या निकालाचे मजगतीं उपस्थीत करूंक शकताले आनी थारांवक मेळटले आशिल्ले.

11. आयुक्तांची नेमणूक वा सोपूतपत्रा सयत छायाचित्रां वा व्हिडिओ सयत इलॅक्ट्रॉनीक साहित्य मागोवप हाचे सारकेल्ल्या हेर खंयच्याय वेगवान प्रणालीचो वापर करून वस्तुस्थितीच्या प्रस्नाचो निर्णय घेवंक येना अशा अपवादात्मक आनी दुर्मीळ प्रकरणांनी न्यायालयान अंमलबजावणेचे कारवाये मजगतीं पुरावे घेवपाची परवानगी दिवंक जाय.

12. न्यायालयान, आक्षेप वा विरोध वा दावो तुच्छपणाचो वा दुश्ट हेतूचो आशिल्लो दिसल्यार, आदेश XII नेम 98 च्या उपनेमाचो (2) वापर करप तशेंच कलम 35 ए प्रमाणें लुकसाण भरपाय खर्च मंजूर करप गरजेचें आसा.

13. सी.पी.सी. च्या कलम 60 खाला “न्यायनिर्णीत देणेकाराच्या नांवान - वा ताच्या खातीर वा ताच्या वतीन विश्वस्त आशिल्ले दुसरे व्यक्तीन” ही संज्ञा, जाचे कडल्यान तो वांटो, नफो वा मालमत्ता मेळोवंक शकता अशे हेर खंयचेय व्यक्तीक समाविश्ट करपा खातीर मेकळेपणान वाचूंक जाय.

14. अंमलबजावणी न्यायालयान दाखल करपाचे तारखे सावन स म्हयन्यां भितर अंमलबजावणेची कारवाय निकालांत काडूंक जाय, जो काळ अशा कळावा खातीर जाल्लीं कारणां दिवनूच वाडोवं येता.

15. पुलिसांचे मजती बगर आदेशाची अंमलबजावणी करप शक्य ना हे वस्तुस्थितीचें समाधान जाले उपरांत, कार्यकारी न्यायालय, आदेशाची अंमलबजावणी करपा खातीर काम करपी अशा

अधिकाऱ्यांक पुलीस सहाय्य दिवपाचो निर्देश संबंदीत पुलीस स्थानकाक दिवंक शकता. जर आदेशाची अंमलबजावणी करताना लोक सेवका आड गुन्याव केलो, जालयार न्यायालयांन ताची खर कायदेशीर दखल घेवपाक जाय.

16. न्यायालयीन अकादमींनी नेमावली तयार करूंक जाय आनी वॉरण्टाची अंमलबजावणी करपी न्यायालयीन कर्मचारी/कर्मचाऱ्यांक अंमलबजावणी न्यायालयांनी जारी केल्ल्या आदेशांची अंमलबजावणी करपा खातीर, जप्ती आनी विक्री आनी हेर खंयचींय अधिकृत कर्तव्यां करपा खातीर योग्य माध्यमां वरवीं सदांच प्रशिक्षण दिवंक जाय.

43. आमी सगळ्या उच्च न्यायालयांक ह्या आदेशाचे तारखे सावन एका वर्सा भितर भारतीय संविधानाच्या कलम 227 आनी सी.पी.सी. च्या कलम 122 खाला आपल्या अधिकारांचो वापर करून केल्ल्या आदेशांचे अंमलबजावणे कडेन संबंदीत सगळ्या नेमांचेर परतून विचार करपाचे आनी अद्यावत करपाचे निर्देश दितात. हे नेम, दिवाणी प्रक्रिया संहिता आनी वयर दिल्ल्या निर्देशां कडेन मेळ सादपी आसात आनी माहिती तंत्रगिन्यान साधनांच्या वापरा सयत अंमलबजावणेची प्रक्रिया वेगवान करपाचो यत्न करूंक जाय, हें उच्च न्यायालयांनी सुनिश्चीत करूंक जाय. जो मेरेन हे नेम अस्तित्वांत येनात, तो मेरेन वयले निर्देश लागू करपा खातीर चालू उरतले.

44. अपील भायर मारली.

अपील भायर मारली.

---

***अस्विकरण***

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच*

*कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.*

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**